



**भारत निर्वाचन आयोग**
भारत वेंचणूक आयोग

# मतदार मार्गदर्शिका

## दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरिकां खातीर वेंचणूक सुलभ करपा खातीर





# प्रस्तावना

दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरिकां खातीर मतदार मार्गदर्शिका भेटयतना वेंचणूक आयोगाक अभिमान दिसता. दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरीक मतदारांक उपलब्ध आशिल्ले हक्क आनी सोयी-सुविधा, मागीर तें मतदान केंद्राचेर मतदान करप आसूं वा तांच्या घरांत बसून केल्ले गुप्तताये विशीं आसूं, हें स्पश्ट करपा खातीर विचारपुर्वक पाळिल्ल्या आमच्या हालींच्या उपक्रमांची एकठावणी आसा. ही मार्गदर्शिका मतदारांक ज्ञान आनी संसाधनां सयत सक्षम करपाचो येत्न करता, वेंचणूक प्रक्रियेंतलो तांचो सहभाग माहितीपूर्ण सोयीस्कर आनी सन्मानजनक आसा हाची खात्री करता.

दरेकी मतदाराचो मतदान वळेरी ते मतदाना मेरेनचो प्रवास तितलोच निर्विघ्न जावचो हे खातीर वेंचणूक आयोग कटीबद्ध आसा. लोकशायेचो हो उत्सव आमी सगळेजाण उत्साहान, सर्वसमावेशकतेन आनी दरेकी मताच्या सामर्थ्याचेर अढळ विश्वासान मनोवया.

## एकूय मतदार चुकोवचे नात

# घटनात्मक आनी कायदेशीर तरतुदी

## घटनात्मक तरतुदी

### कलम 324

संविधानान वेंचणूक आयोगाक पर्यवेक्षण, निर्देश वेंचणूक करूंक आनी मतदार वळेरेची देखरेख करपाचे अधिकार दिल्यात.

### कलम 325

खंयचीच व्यक्ती, ही धर्म, वंश, जात वा लिंगाच्या आदाराचेर विशेश मतदार वळेरेंत आसपावीत करूंक वा दावो करूंक अपात्र थारची ना.

### कलम 326

लोकसभा आनी विधानसभेच्यो वेंचणुको प्रौढ मताधिकाराच्या आदाराचेर घेतले.

## लोकप्रतिनिधीत्व अधिनेम, 1951

कलम 169(1) प्रमाणें केंद्र सरकाराक वेंचणूक आयोगाक सल्लो-मसलत करून शासकीय राजपत्रांतले अधिसुचोवणी प्रमाणें ह्या अधिनेमा अंतर्गत नेम करपाचो अधिकार आसा.

कलम 169(2) (सी) प्रमाणें अशिक्षीत मतदारांक वा शारिरीक वा हेर कसल्याय प्रकाराचें दिव्यांगत्व आशिल्ल्या मतदारांक कशे पद्धतीन मतदान करप हें थारावपाचो नेम करपाचो अधिकार दिला.

### वेंचणूक संचालन नेम, 1961

नेम 25 आनी 27 जी प्रमाणें अशिक्षीत वा शारिरीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्या मतदाराक  मतदान करपा खातीर मागणी प्रमाणें मजत करपाची परवानगी आसा.

नेम 40, 49 एन आनी 49 पी (4) प्रमाणें द्दश्टीदोश आशिल्ल्या मतदाराक मतदान कक्षांत वतना प्रौढ साथीदाराची मजत घेवपाची मेकळीक दिता.

### दिव्यांग व्यक्तींचो हक्क अधिनेम, 2016

मतदानांतले सुलभते विशीं आरपीडब्ल्यूडी अधिनेम, 2016 च्या कलम 11 प्रमाणें भारत वेंचणूक आयोग हें सुनिश्चीत करतलो की, सगळीं मतदान केंद्रां दिव्यांग व्यक्तीं खातीर सुलभ आसतलीं आनी वेंचणूक प्रक्रिये कडेन संबंदीत सगळें साहित्य तांकां सोंपेपणीं समजपा सारकें आनी सुलभ आसतलें.

# नांव नोंदणी प्रक्रिया

मतदान करपा खातीर मतदार नोंदणी अर्ज भरून नांव नोंदणी करप आवश्यक आसा. आदींच नांव नोंदणी जाल्ली आसल्यार, मतदार वळेरेंत तुमचें नांव योग्य प्रकारान आसा कांय ना हाची वेळार खात्री करून घेवची. ऑनलायन, ऑफलायन वा हायब्रीड मोडांत फॉर्म भरून स्थिती तपासूं येता. संबंदीत फॉर्मांत स्वताक दिव्यांग मतदार म्हूण चिन्नीत करूं येता, जाका लागून मतदानाच्या दिसा कांय विशेश सुविधा मेळोवंक शकतले.

1. सर्वसाधारण मतदार म्हूण नांव नोंदणीचे निकश, ती व्यक्ती सकयल्या प्रमाणें आसूंक जाय –



## 2. मतदार म्हूण नांव नोंदणी करपा खातीर चार पात्रताय तारखो

आतां एखाद्री व्यक्ती वर्सभरांत उपलब्ध आशिल्ल्या चार कट-ऑफ तारखांनी  नवी मतदार म्हूण नोंदणी करूंक शकतात.




## 3. तुमच्या फॉर्माचो प्रकार निवडचो:




फॉर्म 6: नवे मतदार नोंदणी खातीर

फॉर्म 6 अ: परदेशांत निवास करपी मतदारान, मतदार वळेरेंत नांव आसपावीत करपा खातीर

फॉर्म 7: विद्यमान मतदार वळेरेंत प्रस्तावीत नांव आसपावीत करप/ वगळावणी हाचेर आक्षेप घेवपा खातीर.

फॉर्म 8: विद्यमान मतदार वळेरेंतले नोंदींत निवास स्थान बदलप/ दुरुस्ती करप/ एपीक बदलप/ दिव्यांगांक चिन्नांकीत करप.

फॉर्म 6 बी: आधार-एपीक जोडपा खातीर/ आधार आयडी नाशिल्ल्या मतदार वळेरेचें प्रमाणीकरण करपा खातीर (ऐच्छीक तत्वांचेर)

# 4. फॉर्मा हाचे वरवीं भरूं येतात:

### ऑनलायन मोड:

voters.eci.gov.in वा मतदार हॅल्पलायन एप वा सक्षम-इसीआय एपाचेर वचून फॉर्म भरचें आनी दाखल करचें. संदर्भ आयडी वापरून अर्जाची स्थिती तपासची.

### ऑफलायन मोड:

मतदार नोंदणी अधिकारी/ सहाय्यक मतदारनोंदणी अधिकारी आनी बूथ स्तरीय अधिकारी हांचे कडेन अर्ज फुकट उपलब्ध आसात. ह्या कार्यालयांनी अर्ज मेळोवपा खातीर आनी सादर करपा खातीर दिव्यांग मतदारांक प्राधान्य दितले. अर्ज वैयक्तीक रितीन फायल करूंक शकता वा ईआरओच्या नांवान टपाला मार्फत धाडूंक शकतात वा बूथ स्तरीय अधिकाऱ्या कडेन दिवंक शकतात.

### हायब्रीड मोड:

वयले अर्ज मतदार सेवा पोर्टला वयल्यान पीडीएफ स्वरुपांत डावनलोड करूं येतात. ताची मुद्रीत प्रत भरून ईआरओ/ एईआरओ कडेन दाखल करूं येता वा बूथ स्तरीय अधिकाऱ्या कडेन दिवंक जाता.

# 5. दिव्यांग मतदार म्हूण स्वताक कशे चिन्नांकीत करप?

## नवो मतदार-
## फॉर्म 6 ची रांक 9 भरची (ऑनलायन वा ऑफलायन मोड)

| | | | |
|---|---|---|---|
| (9) दिव्यांगत्वाची श्रेणी, जरी आसल्यार (पर्यायी) | लोकोमोटिव्ह | दृश्टीदोश आसल्यार | मोनो & भेरो |
| जरी कोणूय मतदार - | (वर्णन दिवचें) | | |
| दिव्यांगत्वाची टक्केवारी | %, जोडिल्लें प्रमाणपत्र (योग्य बॉक्स खुणावचें) | हय | ना |

## विद्यमान मतदार-
## फॉर्म 8 ची रांक 4 भरची (ऑनलायन वा ऑफलायन मोड)

4. दिव्यांग व्यक्ती चिन्नांकीत करपा खातीर अर्ज

दिव्यांगत्वाची श्रेणी (दिव्यांगत्वाचे श्रेणी खातीर योग्य बॉक्स खुणावचें) जरी कोणूय मतदार -

| | | | |
|---|---|---|---|
| लोकोमोटिव्ह | दृश्टीदोश आसल्यार | मोनो & भेरो आसल्यार | (वर्णन दिवचें) |
| दिव्यांगत्वाची टक्केवारी | %, जोडिल्लें प्रमाणपत्र | (योग्य बॉक्स खुणावचें) | हय ना |

# मतदानाच्या दिसा पयलीं, जाणून घेवपाच्यो गजाली

## तुमच्या बीएलओक (बूथ स्तरीय अधिकारी) जाणून घेवचो

दरेकी मतदान केंद्राक सुसंगत मतदार वळेरीचो भाग अद्यावत दवरपाची जबाबदारी बूथ स्तरीय अधिकाऱ्यांची (बीएलओ) आसता. वळेरीची विश्वासार्हता सुनिश्चीत करपा खातीर ते प्रत्येक घराक प्रत्यक्ष भेट दितात. प्रत्येक मतदारान सामान्यत: त्या भागांतले रहिवासी आशिल्ल्या संबंदीत बीएलओच्या संपर्कांत रावपाचो सल्लो दिला. मतदार सेवा पोर्टल, मतदार हॅल्पलायन एप आनी सक्षम-ईसीआय एपा वरवीं मतदार आपल्या बीएलओचे तपशील जाणून घेवंक शकता.

**तुमचें मतदान केंद्र जाणून घेवचें:**

- मतदार हॅल्पलायन एपाच्या माध्यमांतल्यान
- सक्षम-ईसीआय एपाच्या माध्यमांतल्यान
- voters.eci.gov.in लॉगीन करचें
- मतदार हॅल्पलायन क्रमांक 1950

## मतदार वळेरेंत नांव सोदचें:

एपीक (मतदार फोटो वळखपत्र) आसप म्हणल्यार मतदान करुंक मेळटलें अशें ना. मतदाराचें नांव मतदार वळेरेंत आसप आवश्यक आसा. मतदार वळेरीची निश्ठा दवरपा खातीर आतां ती वर्सांतल्यान खूब वेळार अद्यावत करतात. ऑनलायन आनी ऑफलायन अशा दोन पद्धतीन हें तपासूं येता.

* मतदार हॅल्पलायन एप- (एण्ड्रॉयड/आयओएस चेर उपलब्ध आसा)
* मतदारांचें पोर्टल- https://voters.eci.gov.in/ क भेट दिवची.
* 1950 चेर एसएमएस करचो :ECI<SPACE><EPIC No>
* सक्षम-ईसीआय एप (एण्ड्रॉयड)/सक्षम-ईसीआय एप (आयओएस)

# मतदान करचे आदीं, तुमच्या उमेदवाराक जाणून घेवचो:

### मतदार हॅल्पलायन एपाच्या माध्यमांतल्यान:

टप्पो 1- मतदार हॅल्पलायन एपाचेर लॉगीन करचें

टप्पो 2- उमेदवार माहिती पर्याय निवडचो

टप्पो 3- वेंचणूक निवडची (एसी/ पीसी खातीर जीई)

टप्पो 4- उमेदवार निवडचो

टप्पो 5- उमेदवारान दाखल केल्ल्या सोपूत पत्राचेर क्लिक करचें

### केवायसी एपाच्या माध्यमांतल्यान:

टप्पो 1- केवायसी एपाचेर लॉगीन करचें

टप्पो 2- वेंचणूक प्रकार निवडचो (एसी/पीसी खातीर जीई)

टप्पो 3- उमेदवार निवडचो

टप्पो 4- उमेदवारान दाखल केल्ल्या सोपूत पत्राचेर क्लिक करचें

टप्पो 5- उमेदवारान दाखल केल्लें सोपूत पत्र आनी ताची गुन्यांवकारी फाटभूंय, जरी आसल्यार, ती माहिती मेळोवची.

# मतदानाचो दीस

## मतदानाच्या आदल्या दिसा आनी मतादानाच्या दिसा खातीर तयार रावचे, मतदार वळेरेंत तुमचें नांव तपासचें, मतदान केंद्र तपासचें.

### मतदार माहिती स्लीपः

मतदारांक तांच्या मतदान केंद्रा वयले मतदार वळेरेंतलो अनुक्रमांक, मतदानाची तारीख, वेळ आनी हेर माहिती मेळोवपा खातीर जिल्लो वेंचणूक अधिकाऱ्या मार्फत सगळे नोंदणीकृत मतदारांक मतदानाचे तारखेच्या उण्यांत 5 दीस पयलीं, बीएलओ कडल्यान मतदार माहिती स्लीप दितले. ह्या QR कोडा सयत मतदान केंद्र, तारीख, वेळ आनी हेर माहिती आसपावता, पूण मतदाराचो फोटो आसना. वळख पटोवपी पुरावो म्हूण हाका परवानगी ना. दृश्टीदोश आशिल्ले व्यक्ती खातीर सामान्य मतदार माहिती स्लिपी सयत ब्रेल लिपी सयत मतदार माहिती स्लीप जारी करतात.

## मतदान केंद्रा भोंवतणीचो तुमचो मार्ग जाणून घेवचो

### मतदान केंद्राची मॉडेल मांडणी

### एकोडी वेंचणूक (विधानसभा मतदारसंघ आनी संसदीय मतदारसंघ)




मतदान अधिकारी-1
मतदारांची वळख पटयता आनी ई-रोलाच्या चित्रांकीत प्रतीचो प्रभारी आसतलो

मतदान अधिकारी-2
अमीट शाय आनी मतदारांची निशाणी घेतलो

मतदान अधिकारी-3
कण्ट्रोल युनिटाचो प्रभारी

# मतदान केंद्राची मॉडेल मांडणी
## एकाच वेळार वेंचणुको (विधानसभा मतदारसंघ आनी संसदीय मतदारसंघ)

**मतदान अधिकारी-1**
मतदारांची वळख पटयता आनी ई-रोलाच्या चित्रांकीत प्रतीचो प्रभारी आसतलो

**मतदान अधिकारी-2**
अमींट शाय आनी मतदारांची निशाणी घेतलो




**मतदान अधिकारी-3**
मतदार स्लीप

**मतदान अधिकारी-4**
नियंत्रण युनिट लोकसभे खातीर प्रभारी

**मतदान अधिकारी-5**
नियंत्रण युनिट विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रभारी

## मतदान केंद्राचेर चित्रांकीत फलक आनी तांचो अर्थ:


प्राधान्य प्रवेश


विशेश स्वयंसेवक


वाहतूक सुविधा


सांकेतीक भास


हॅल्प डॅस्क


व्हीलचॅरा खातीर रॅम्प


सुलभ शौचालये


चिन्नां


मतदार हॅल्पलायन


ब्रेली सयत ईव्हीएम

# मतदान केंद्राचेर वळख पटोवपी पुरावो म्हूण स्विकारिल्ले दस्तावेज

- मतदार वळखपत्र (एपीक)
- आधार कार्ड
- पॅन कार्ड
- युनिक डिसॅबिलिटी आयडी (यूडीआयडी) कार्ड
- सेवा वळखपत्र
- बँक / टपाल कार्यालयाचो पासबूक
- भलायकी विमो स्मार्ट कार्ड (श्रम मंत्रालय)
- वाहन चालक परवानो
- पासपोर्ट
- एनपीआर अंतर्गत आरजीआय वरवीं जारी केल्लें स्मार्ट कार्ड
- पॅन्शन दस्तावेज
- खासदार/आमदार/विधान परिशद वांगड्यांक जारी केल्लें अधिकृत वळखपत्र
- मनरेगा जॉब कार्ड



# मतदानाची प्रक्रिया

मतदार रांकेंत उबो रावता →



→ 1 लो मतदान अधिकारी मचें नांव मतदार वळेरेंत आनी तुमच्या वळखपत्र पुराव्याचेर तपासता →



→ 2 रो मतदान अधिकारी बोटाच्या नाखटाक अमीट शाय लायता, स्लीप दिता आनी तुमची निशाणी घेता ↓



← 3रो मतदान अधिकारी स्लीप घेता आनी तुमच्या बोटाच्यानाखटाचेर खूण तपासता ←



← ईव्हीएमाचेर मतदान करुंक मतदार वेंचिल्ल्या उमेदवारा / NOTA च्या सामकारचो बटण दामता; तांबडी लायट पेट्टा. ←






व्हीव्हीपॅटांत पेपर स्लीप दिसली ना वा मोठ्यान बीप आयकूंक आयलो ना जाल्यार मतदान केंद्राध्यक्षाक संपर्क करचो

ही स्लीप हारशांतल्यान अदमासान 7 सॅकण्ड्स मेरेन दिसतली. मुद्रीत केल्ली स्लीप ही व्हीव्हीपॅटांत सुरक्षीत आसतली

ईव्हीएम मशिनांचेर निमाणो पर्याय म्हूण हातूंतलो कोणूच नाका (NOTA) उपलब्ध आसा

# दिव्यांग आनी ज्येश्ठ नागरीक मतदारां खातीर वेंचणूक आयोगा कडल्यान दिल्ल्यो सुविधा:

- मतदारांचे सोयी खातीर तळ माळ्याचेर मतदान केंद्रां
- मतदान केंद्राचेर आश्वस्त किमान सुविधा (एएमएफ) खाला दिव्यांग-अनुकूल सुविधा (जशे: ग्रेडिएण्ट आनी योग्य हॅण्डरेल आशिल्ले रॅम्प)
- मतदान केंद्र/ प्राधान्य प्रवेशाचे सुवातेर वेगळी रांक
- मतदान केंद्राचेर व्हीलचॅराची वेवस्था
- मतदानाच्या दिसा फावो तितली वाहतूक वेवस्था
- मतदान केंद्राचेर दिव्यांग विशिश्ट मतदान स्वयंसेवक
- प्रवेश दारा सावन मतदान कक्षा मेरेन चिन्नांचे फलक, आडमेळीं मुक्त रुंद सपाट वाट
- ब्रेल लिपयेंतल्यान मतदार माहिती स्लीप (व्हीआयएस)/एपीक
- ब्रेल लिपयेंत डमी मतपत्रिका
- ईव्हीएमाचेर ब्रेल लिपी
- उणी दृश्टी आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर मॅग्नीफाइंग ग्लास/ शीट्स.
- फॉर्म 12 डी वरवीं पोस्टल बॅलट सुविधा पर्यायाचो लाभ घेवन बेंचमार्क दिव्यांगत्व आशिल्ली व्यक्ती आनी 85 वर्सां वयल्या ज्येश्ठ नागरिकां खातीर घरा कडेन मतदान (होम वोटींग) सुविधा.



# ईव्हीएमा वरवीं मतदान करप




### मतदाना खातीर तयार

तुमी जशे मतदान कक्षांत भितर सरतात, 3 रो मतदान अधिकारी बॅलट युनिट सक्षम करता. बॅलट युनिटाची 'रेडी' लायट पेटूंक लागतली.

1



### तुमचें मत दिवचें

तुमचे पसंतीच्या उमेदवाराच्या नांवा / चिन्ना सामकार / NOTA पर्याया मुखार आशिल्लो बॅलट युनिटाचो निळो बटण दामचो

2



### लायट पळोवची

तुमी पसंत केल्ल्या उमेदवाराच्या नांवा / चिन्ना सामकार / NOTA पर्याया मुखार आशिल्ली तांबडी लायट पेट्टली

3




### मचें मत सत्यापीत करचें

व्हीव्हीपॅट, बॅलट स्लीप मुद्रीत करतलें आनी अनुक्रमांक, निवडिल्ल्या उमेदवाराचें नांव आनी चिन्न / NOTA दाखयतलें

4



### 'बीप' आयकुचो

नियंत्रण कक्षांतल्यान (कण्ट्रोल युनिटांतल्यान) आयिल्लो लांब 'बीप' आवाज, मतदान येशस्वीपणान नोंद जाल्ल्याचें कळयता

5

# दिव्यांग (बेंचमार्क दिव्यांगत्व आशिल्ले) आनी ज्येश्ठ नागरीक (85 वर्सां वयले) हांचे खातीर घरा कडेन मतदान (होम वोटींग) सुविधा

भारत वेंचणूक आयोगान सगळ्या मतदारांक घरा भायर सरून आप-आपल्या मतदान केंद्राचेर मतदान करपाचें आवाहन केलां. पूण, जांकां शारिरीक दिव्यांगत्व वा वाडटे पिरायेक लागून थंयसर वचून मतदान करप शक्य ना, तांचे खातीर हालींच्या काळार गैरहाजीर मतदार (एव्ही) ही संकल्पना मांडिल्ली. हे सुविधेचो लाभ घेवपा खातीर मतदार हो दिव्यांग वा 85 वर्सां परस चड पिरायेची आशिल्ली ज्येश्ठ नागरीक आसप आवश्यक आसा. मतदान पोस्टल बॅलट पेपरा वरवीं आनी सामान्य मतदानाचे तारखे पयलीं जातलें. मतपत्रिका दोट्टी लखाट्यांत बंद करून वेंचणूक निर्णय अधिकाऱ्या मेरेन पावयिल्ल्यान मतपत्रिकेची पूर्ण गोपनीयता राखतले.

## दिव्यांग / ज्येश्ठ नागरीक मतदारांनी पोस्टल बॅलटा वरवीं मतदान करपा खातीर पात्रताय अटी:

दिव्यांगत्व आशिल्ली व्यक्ती (एव्हीपीडी): दिव्यांग हक्क अधिनेम, 2016 च्या कलम 2 खाला मतदार वळेरी खातीर डेटाबेसांत चिन्नांकीत केल्लें आनी संबंदीत प्रमाणन प्राधिकरणा वरवीं प्रमाणीत बेंचमार्क दिव्यांगत्व प्रमाणपत्र (निर्दिश्ट दिव्यांगत्वाच्या 40% परस कमी नाशिल्लें) आशिल्लो मतदार.
फॉर्म 12डी त मतदाराक बेंचमार्क दिव्यांगत्व प्रमाणपत्राची प्रत वांगडा जोडूंक जाय.

ज्येश्ठ नागरीक (एव्हीएससी) :
85 वर्सां परस चड पिरायेचो मतदार.
मतदार वळेरी डेटाबेसांत पिरायेचो उल्लेख आसा आनी मतदाराक फॉर्म 12डी वांगडा कसलेंच अतिरिक्त प्रमाणपत्र वा प्रतिज्ञापत्र दिवपाची आवश्यकता ना.



# पोस्टल बॅलटा वरवीं अनुपस्थीत मतदाना खातीर मानक संचालन प्रक्रिया

पांवडो 1: वेंचणूक निर्णय अधिकाऱ्यान दिल्ल्या तपशीला प्रमाणें, बीएलओ अनुपस्थीत मतदारांच्या (85 वर्सां परस चड आनी बेंचमार्क दिव्यांगत्व आशिल्ले दिव्यांग) घरा वचून संबंदीत मतदाराक फॉर्म-12डी दितलो आनी तांचे कडल्यान पावती घेतलो.




पांवडो 2: बीएलओ अधिसुचोवणीच्या 5 दिसां भितर भरिल्लें फॉर्म 12 डी उमेदवाराच्या घरा वचून घेतलो आनी रोखडेंच व्हरून वेंचणूक निर्णय अधिकाऱ्याचे सुवादीन करतलो.




पांवडो 3: ज्या मतदारांचे फॉर्म-12डी तले तपशील योग्य आसात अशें कळ्ळ्यार, अशा सगळ्या मतदारांक पोस्टल बॅलट पेपर दितले. मायक्रो ऑब्झर्व्हरा सयत मतदान अधिकाऱ्यांचे पथक, मतदारान तांच्या फॉर्म-12डी अर्जांत उल्लेख केल्ल्या नाम्याचेर भेट दितलें.



पांवडो 4: मतदाराची वळख सत्यापीत करूंक जाय. मतदाराक पोस्टल बॅलट दितले. मतदार आपलें मत खुणायतलो आनी एका ल्हान लखोट्यांत मतपत्रिका घालतलो.




पांवडो 5: प्राधिकृत वेंचणूक अधिकाऱ्यान प्रमाणीत केल्लें फॉर्म-13ए त योग्य रितीन भरिल्लें आनी निशाणी केल्लें घोशणापत्र आनी चिन्नांकीत मतपत्रिका आशिल्लो बंद लखोटो (फॉर्म-13बी) व्हडल्या लखोट्यांत (फॉर्म-13सी) भितर घालूंक जाय.




पांवडो 6: व्हडलो लखोटो बंद करून, तो वेंचणूक अधिकाऱ्याचे सुवादीन करचो.



# ईसीआयचीं सुविधा एप्लिकेशनां


डिजिटल युगांत मोबायल एप्लिकेशनां (एप्स) ही संपत्ती आसा. भारत वेंचणूक आयोगा कडेन अनेक विश्वासार्ह मोबायल एप्लिकेशनां आसात, जीं मतदारांक वापरुंक उपयुक्त आनी सोयीस्कर दिसतलीं. हें एण्ड्रॉयड आनी आयओएस दोनूय आवृत्त्यांनी उपलब्ध आसात आनी फुकट डावनलोड करुंक मेळटात. दिव्यांग व्यक्ती आनी ज्येश्ठ नागरीक हाचो लाभ घेवंक शकतले अश्यो कांय गजाली हांगासर आसात.

## सक्षम-ईसीआय एप

सक्षम-ईसीआय एप हें दिव्यांग व्यक्तीं खातीर (पीडब्ल्यूडी) डिजिटल सक्षमक आसा.

### मुख्य खाशेलपणां

* मतदार म्हूण नोंदणी करचे
* पीडब्ल्यूडी स्थिती चिन्नांकीत करची
* दुरुस्तीची मागणी/ स्थलांतराची मागणी
* मतदान केंद्राचें ठिकाण / मतदान अधिकाऱ्याचो संपर्क तपशील जाणून घेवचो
* मतदान केंद्राचेर हाड-व्हर (पिक-एण्ड-ड्रॉप)/ व्हीलचॅर/ सहाय्याची मागणी
* वेंचणूक प्रक्रियेंत घेतना कसल्योय समस्या आयल्यार, कागाळ दाखल करची
* दश्टीदोश आशिल्ल्या दिव्यांगां खातीर वॉयस एसिस्टण्ट
* आयकूंक येना आशिल्ल्या दिव्यांगां खातीर Text-to-Speech सुवधिा
* फॉण्टाचो व्हड आकार आनी उच्च विरोधाभासी रंग



# मतदार हॅल्पलायन एप

मतदार हॅल्पलायन एप हें नांव-नोंदणी ते वेंचणूक निकाला मेरेनच्या सगळ्या वेंचणुकांच्या गरजां खातीर वन स्टॉप सोल्यूशन आसा

## मुख्य खाशेलपणां

* मतदार वळेरेंत नांव सोदचें/ नांव नोंद करचें
* जनसांख्यिकीय तपशीलांत बदल करपाची मागणी
* सगळ्या प्रकाराचीं व्हीएसपी फॉर्मां भरचीं आनी अपडेट्स मेळोवचे
* 'आधार' क 'एपीक' कडेन लिंक करचें
* तुमची डिजिटल मतदार स्लीप डावनलोड करची
* कागाळ दाखल करची
* वेंचणुकेचें वेळापत्रक/ नकाशे/ घोशणा मिळोवची
* डिजिटल फोटो मतदार स्लीप मिळोवची
* मतदान केंद्राचेर रांकेची सुवात सोदची
* उमेदवाराचो प्रोफायल जाणून घेवचो
* ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅटाच्या वापरा विशीं जाणून घेवचें
* फाटले वेंचणुकेचो सांख्यिकी अहवाल मिळोवचो
* मतदार जागृताय आनी प्रशिक्षण व्हिडिओ पळोवचे
* वेंचणुकेचे निकाल मिळोवचे
* तुमचें मतदान केंद्र सोदचें

# cVigil एप

cVigil एप नागरकिांक वेंचणुके मजगती  आदर्श आचारसंहितेच्या उल्लंघनाच्या खात्रीलायक प्रकरणांची माहिती दिवपाचो अधिकार दिता. हें एप टायम स्टॅम्पिंग, ऑटो लोकेशन खाशेलपणां सयत लायव्ह फोटो प्रदान करता, जाका लागून वेंचणूक यंत्रणेक उल्लंघनाचें ठिकाण वळखूंक आनी भरारी पथक धाडून, रोखडीच कारवाय करूंक मजत जाता. जीआयएस-आदारीत डॅशबोर्ड क्षुल्लक आनी संबंदीत प्रकरणांचेर कारवाय करचे पयलीं, तांकां वगळावपा खातीर आनी निकालांत काडपा खातीर एक मजबूत निर्णय साधन प्रदान करता. cVigil एपा वरवीं दाखल केल्ल्यो कागाळी, वेंचणूक निरिक्षकांक ऑब्झर्व्हर एपाचेर उपलब्ध आसतात.

# मुख्य खाशेलपणां

• एप्लिकेशनांतल्यान लोकेशन स्वयंचलीत कॅप्चर करतात

• टायम स्टॅम्पिंग

• निनांवी आनी अ-निनांवी लॉगीनाक परवानगी दितात

• रील फोटो / व्हिडिओ कॅप्चर करून मोबायल एप्लिकेशनांतल्यान सबमीट करूंक 5 मिण्टां

• मोबायल एप्लिकेशना भायर फोटो क्लिक करूंक शकनात

• फकत लायव्ह व्हिडिओ आनी फोटो कॅप्चर करूंक परवानगी दिता

NOTHING LIKE VOTING
I VOTE FOR SURE

CEO GOA

चुनाव का पर्व
DESH KA GARV
LOK SABHA ELECTION 2024




**Office of The Chief Electoral Officer, Goa**
Altinho, Panaji, Goa - 403001 Ph : 0832-2225448, 2435518, 2225215

## "No voter to be left behind"

eci.gov.in  FB.com/ECI  @ecisveep  youtube.com/eci  @ecisveep